# राष्ट्र ध्वजाचो अपमान, अनादर करतल्यांचेर कारवाय जातली

ता. 13 फेब्रुवारी 2019
24 माघ 1940

भारत देशात राष्ट्रध्वज, राष्ट्रगीत आनी हेर राष्ट्रीय सन्मानांचो अपमान, अनादर आनी तिरस्कार घडचो न्हय म्हुण राष्ट्रीय सन्मान अपमान प्रतिबंध कायदो 1971 आनी भारतीय ध्वज संहिता 2002 लागू आसा. हया कायद्यात राष्ट्रध्वज प्रदर्शित करपाविशी संहितेची तरतूद केल्ली आसा.

हया कायद्यातल्या तरतूदींप्रमाण राष्ट्र ध्वज वा भारतीय संविधान वा ताचो खंयचोय भाग भौशीक नदरेतल्यान खंयच्याय भौशीक जाग्याचेर वा हेर खंयच्याय जाग्याचेर लासप, कुडके करप, विद्रुप करप, इबाडप, नाश करप, पायांनी मस्तप-चिड्डप वा दुसरे तरेन अनादर, अपमान वा तिरस्कार करप (जांव मागीर तो उलयिल्ल्या वा बरयिल्ल्या उतरांनी वा कृतीतल्यान आसू) हया कायद्याचो भंग थारता आनी गुन्यावकाराक तीन वर्सा मेरेन बंदखणीची ख्यास्त वा दंड वा दोनीय ख्यास्त जावपाक शकता.

भारतीय राष्ट्रध्वज हया व्याख्येत राष्ट्रध्वज वा ताच्या खंयच्याय भागाचो वा भागांचे खंयचेय चित्र, आकृताय, पेटिंग, फोटोग्राफ वा हेर दृश्याचो (जांव मागीर ते कसल्याय वस्तूपासून तयार केल्ले आसून वा खंयच्याय वस्तूचेर प्रदर्शित केल्ले आसू) आसपाव जाता.

भारतीय राष्ट्र ध्वजाचो अनादर करप म्हळयार राष्ट्र ध्वजाचो अपमान, तिरस्कार करप, खंयच्याय व्यक्तीक वा स्मारकाक अभिवादन वा सलामी दितना राष्ट्रध्वज सकयल करप, सरकारान खंयच्याय प्रसंगार भौशीक इमारतीचेर अदर्यार राष्ट्रीय बावटो हुबोवपाचो दिल्लो आदेश सोडून अदर्यार राष्ट्रीय बावटो हुबोवप, राज्य अंत्यविधी वा सैन्य दळ वा हेर निमलष्करी दळांतल्या जवानांच्यो अंत्यविधी सोडून राष्ट्रीय बावटयाचो खंयच्याय प्रकारात लुगट म्हुण वापर करप, खंयच्याय मनशाच्या कमरेसकयल राष्ट्रीय बावटयाचो न्हेसण, गणभेस वा हेर भाग म्हुण वापर करप, राष्ट्रध्वजाचे उशें(कुशन),रूमाल, नॅपकीन, अंतवस्त्र वा खंयच्याय हेर वस्त्राचेर भरतकाम करप वा शापप, राष्ट्रध्वजाचेर कित्येय कोरांतप, प्रजासत्ताक दीस वा स्वातंत्र्य दीस अशा खास प्रसंगार सुवाळयाचो भाग म्हुण राष्ट्रध्वज हुबोवपाचे पयली फुलांच्या पाकळया खेरीज हेर कित्येक घेवपाक, दिवपाक वा व्हरपाक राष्ट्रध्वजाचो गुठलावपाक वापर करप, राष्ट्रध्वजाचो वापर पुतळो वा स्मारक वा वक्त्यांचो डेस्क वा वक्त्यांचो प्लॅटफॉर्म धापपाक करप, राष्ट्रध्वज हेतूपूर्वक जमनीर वा उदकात उडोवप, राष्ट्रध्वजाचो वापर मोटार, ट्रेन, बोट, विमान वा हेर

खंयचेय वाहन वा वस्तूचे हुड, टप वा हेर भाग धापपाक करप, राष्ट्रध्वजाचो वापर इमारत धापपाखातीर करप वा हेतुपूर्वक केसरी रंग सकयलेवटेन करून राष्ट्रध्वज हुबोवप अशा कृतीचो आसपाव जाता.

राष्ट्रगीत म्हणपाक आडावप-जो कोणूय हेतुपूर्वक भारतीय राष्ट्रगीत म्हणपाक आडायता वा राष्ट्रगीत म्हणपाच्या सभेक आडमेळी हाडटा अशा कृतीखातीर तीन वर्सांमेरेन बंदखण वा दंड वा दोनीय ख्यास्त जावपाक शकता.

दुस-या वा उपरांतल्या गुन्यावाखातीर कमीत कमी ख्यास्त-जाका कलम 2 वा कलम 3 खाला हे आदीच ख्यास्त जाल्या आनी तांणी परत अशाच तरेचो गुन्याव केलो जाल्यार ताका फुडल्या प्रत्येक गुन्यावा खातीर एका वर्सा परस चड काळाच्या बंदखणीची ख्यास्त जावपाक शकता.

मा/वाप/एनएन/जॉआ/विगा/सुसुका/2019/101